चांफेल्ली सांज

पांडुरंग भांगी

03908
60
WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
विश्व कोंकणी पुस्तकालय

चांफेल्ली सांज

पांडुरंग भांगी

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
विश्व कोंकणी पुस्तकालय

ॐ श्री दत्त पद्मजा प्रकाशन

चांफेल्ली सांज — Champhelli Sanj
पांडुरंग भांगी — Pandurang Bhangi

प्रकाशन क्र. ८

© सौ. लक्षीमबाय पांडुरंग भांगी

पयली उजवाडावणी : १३ आगश्ट १९९७

उजवाडावपी
मिलींद कमलाकर म्हाळशी
ॐ श्री दत्त पद्मजा प्रकाशन
श्रीस्थळ, काणकोण – गोंय ४०३ ७०२

अक्षरजुळणी
राजेश भाटीकार
तन्वी ग्राफिक्स
मडगांव – गोंय

छापपी
फा. फ्रॅंडी डिकॉश्ता
न्यू एज प्रिंटर्स
सांताक्रूज, पणजी – गोंय

मुखचित्र
दिगंबर सिंगबाळ

मोल ४५/– रुपया

ISBN 81-900808-7-3

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
विश्व कोंकणी पुस्तकालय

ज्यांकां लागून

म्हगेली सांज

चांफेली

त्या म्हज्या

लक्तुबायेच्या नात्रांक

कृतज्ञताय

पिंडानूच कवी आशिल्ल्या अध्यात्मीक वृत्तीच्या तितल्याच विज्ञानीक नदरेच्या विचारवंत भांगीबाबांकडेन जाल्ले वळखीचें रुपांतर इश्टागतींत केन्ना जालें कळ्ळेंच ना आनी ताकाच लागून सद्या उतरांचे व्युत्पत्तीच्या सोदांत गुल्ल जाल्ल्या, प्रसिद्धीपसून पयस अशा ह्या कवीची गुढाचो सोद घेवपी कविता पर्थून एक फावट सगल्यां सामकार येवची असो विचार खरायेन मनांत आयलो.

कवी भांगीबाबांकडेन हे संबंदान उलयलों आनी खोशयेची गजाल म्हळ्यार संवसाराच्या व्यापातापांत घुसपवनूय जाल्यार अणभवाच्या आदारान स्वतामदलें मोगाळपण राखून दवरिल्ल्या भांगीबाबांनी आपल्या उजवाडा येवंक नाशिल्ल्या कवितांचें हातबरप व्हडा उमेदीन तयार करून म्हजेकडेन दिलें.

म्हज्या घरच्याच ॐ श्री दत्त पद्मजा प्रकाशन वरवीं कवी भांगीबाबांची 'चांफेल्ली सांज' ही साहित्यकृती आयज वाचकांमुखार येता, हो आनंद भांगीबाबां इतलोच म्हाकाय जाता. कारण, 'चांफेल्ली सांज' मदल्यो कविता वयलेवयर पळोवपाक अनवळखी जिणेवाटेर 'उमाशेची काळखी' कश्यो दिसल्यो, तरी त्यो खात्रीन 'अखेरचें पेणें' मोगरेच्या कळ्यांवेलें चांदनें करपाचो शक्तवंत हावेस बाळगुपी चांफेल्ल्यो कविता आसात हाची प्रचिती कवितासंग्रह वाचतना आनी चड करून सोंपोवन दवरले उपरांत वाचकांक आयलेबगर रावची ना!

बाकी एक खरें, साहित्यांतलें बरें-वायट वाचकांनीच थारावपाचें! तो तांचो मुळावो हक्क. 'चांफेल्ली सांज' तरी हाका आडवाद कित्याक थरची?

कवी भांगीबाबांक हे निमतान परबीं. तांचेखातीर घटमूट आरोग्याचें मागणें आनी 'चांफेल्ली सांज' उजवाडा हाडपाक संद दिवन इश्टागतीसंबंदीची कृतज्ञताय कृतीन उक्तावपाक मेळिल्ले खातीर कृतज्ञताय.

ॐ श्री दत्त
श्रीस्थळ, काणकोण

१३ आगस्ट १९९७ — कमलाकर दत्ताराम म्हाळशी

कविता अशी येता

भुरगेपणांत हांव चडसो एकोडोच उल्लों. म्हाका म्हज्या बराबरचे अशे भुरगे सांगाताक मेळ्ळेच नात. वांगडचे भुरगे नाशिल्ल्यान, त्या वयांत भुरगे जे खेळ खेळटात ते हांव खेळुंकच पावलों ना. ताका लागून म्हज्या भितरच रावपाची म्हाका सवंय जाली. तीच म्हज्या निजाची प्रकृती जाली. जेन्ना बरप-अक्षर शिकून हांव पुस्तकां वाचूंक लागलों, तेन्ना पुस्तकांतच म्हजें मन रमूंक लागलें. जेन्ना सृजनाची ओड निर्माण जाली, तेन्ना बरोवपांतच हांव गूल्ल जालों. कवितेकडेन पावलों तेन्ना कवितेनच म्हजेकडेन संवाद साधलो. कविता ही म्हज्या भितरच रावपाची म्हजे जिणेची एक तरा जाली.

दर्याचे देगेर बसून ल्हारांचेर सपनां रंगोवप ही म्हजी सवंय जाली. पैस पल्ल्याक वतात त्या होड्यांचीं शिडां पळेत म्हज्या हांवेंच दिगंतेचो प्रवास करचो. अस्तमतेचे रंग पळेत हांवें भान विसरचें. पुनवे दिसा न्हंयच्च्या उदकाचेर चांदन्याचो जो शिंवर जातालो, त्या शिवरांत म्हगेलें मनय चंद्र जातालें. म्हाका नकळटां रगतांत कविता अशी रिगताली.

१९४५सांत, वयाच्या बाविसाव्या वर्सार, हांव गद्यकाव्यां बरोवपाक लागलों. ह्याच वेळार नित्शेचें Assim falava o Zaratustra आनी खलिल जिब्रानचें The Prophet हीं पुस्तकां म्हज्या हातांत पडलीं. ह्या दोनय पुस्तकांनी म्हज्या मनाचेर एक खोल परिणाम केलो. तातूंतल्या काव्यान हांव भारावन गेलों. त्या वेळार हांवें बरैल्ल्या गद्यकाव्यांचेर ह्या दोनय पुस्तकांचो प्रभाव पडला. हीं गद्यकाव्यां हांवें केन्नाच उजवाडाक हाडलीं नात.

१९४८च्या सुमाराक कथा जमता जाल्यार पळोवया म्हणून कथा बरोवपाक हात घालो. ह्यो कथा पासून कवितेचेरच वचपाक लागल्यो. कविताच म्हजी जीण व्यापूंक लागली.

१९५०सांत हांव सरकारी चाकरेंत भितर सल्लों. १९५० धरून १९६० मेरेन हांवें कांयच बरोवंक ना. ह्या काळार पुस्तकां वाचीत मनशांचो सोद घेत रावलों आनी भोंवतणचो संवसार पारखित रावलों. ह्याच काळार बर्ट्रांड रसेलचे 'Marriage and Morals', 'On Education', 'Impact of Science on Society' आनी 'Power' हे ग्रंथ वाचले. ताज्या बाणासारक्या आनी गणित कशा विचारांनी म्हज्या विचाराक एक मुळावण मेळ्ळें. स्टिफन झ्वायगान बरैल्ल्या 'Jozé Fouche', 'Maria Antonieta', Castelio contra Calvino', 'Três Mestres', 'Três poetas da propria existência' ह्या अप्रतिम चरित्रांनी आनी खासा ताज्या 'O mundo de Ontem' ह्या आत्मचरित्रान म्हज्या मुखार एक वेगळोच भावसंवसार निर्माण केलो.

रोमां रोलांची 'Jean Cristophe', Roger Martin du Gard ची 'Les Thibant' हेमिंग्वेची 'O Velho e o Mar' स्टिनब्यॅकची 'पर्ल', आल्बर्ट कामूची 'Outsider', स्टिफन झ्वायगची 'O segredo ardente' ह्या कादंबऱ्यांनी, टॉलस्टॉयच्या आनी टागोराच्या कथांनी मनशाचे जिणेचो एक साक्षात्कार घडैलो. महाभारतान जिणेचो एक भव्य पट म्हज्या मुखार उक्तो केलो. बुद्ध भगवान आनी तुकाराम एक वेगळीच अनुभूती दिवन गेले. इतालियान कवी Quasemodo हाच्या पुर्तुगेज भाशांतरांत वाचिल्ल्या कांय कवितांनी, ब्राझिलेर कवी Manuel Bandeira आनी Castro Alves, पुर्तुगेज कवियत्री Irene Lisboa, पुर्तुगेज कवी Antero de Quental, António Gedeão, António Ramos Rosa, Adolfo Casais Monteiro, Miguel Torga, Mário de Sá Carneiro आनी अखेरेक Fernando Pessoa हांच्या कवितांनी म्हज्या संवेदनांक एक धार हाडली.

कलावंत सोद घेता तो मनशांचे जिणेचो. ही जीण हिमालयाच्या उंचातले ऊंच तेमकांपरस अूंच आसा. महासागरा इतलीच खोल आनी अफाट आसा. हे भावनेनच सृजनाच्या मंदिरांत हांव भितर सल्लों.

पैली कविता आयली १९६१ वर्सा; गोंयचे स्वतंत्रताये उप्रांत. कवितेची कीट म्हज्या अंतरांत पेटिल्लीच आशिल्ली. कवितेकडेन हांव कृतज्ञ आसां. कवितेनच म्हाका जियोबपाचें बळ दिलें. म्हजे जिणेक एक अर्थ दिलो.

जिणेचे हे यात्रेंत कितली तरी अपेसां म्हज्या वांट्याक आयलीं. जायते अपमान सोंसचे पडले. उवेखणी भोगची पडली. कितलीं तरी दुशणां पदराक आयलीं. मनिसपणाचो साक्षात्कार जंय जालो, थंय आनंदान उचंबळून आयलों. परदुख्खान दर्वेलों. दुसऱ्यांच्या व्यथांनी कळवळलों. कारणाविणें घाल्ले घाय मोन्यांनी सोंसले. घट्टल्या घटितांचीं स्पंदनां काळजांत उदेतात आनी त्या त्या प्रसंगार संवेदना उर्मी कशो उसळून येतात.

अंतर्मनाच्या खोल तळांत त्यो संवेदना, विचार-मंथनाच्या चरवणाक छेद दीत, एक वेगळेंच रसायण घडैतात. ह्या रसायणांतल्यान खतखतून उसळलेल्यो संवेदना, मनाचे जागृत अवस्तेंत, कल्पनेचो पडसर घेत, कल्लोळून कवितेच्या रुपान फांकतात. अरुपाक रूप दितात. केन्ना ज्वालामुखिचो उद्रेक जाल्ल्यावरी कविता येता. केन्ना जोगलांवरी लखलखून स्फुरता. केन्ना लख्ख करून वीज पेटिल्लेवरी अकस्मात एक कडवें सुचता, आनी भराभर कविता स्फुरूंक लागता. 'किद्याखातीर हो जन्म?' आनी 'शहर वाढत वता' ह्या दोन कवितांच्या वेळार मात हांवें अनुक्रमान स आनी दोन म्हैने वेणो सोंसल्यात. जाल्यारूय, ह्यो कविता जन्माक येबंक लागल्यो, तेन्ना बशिल्ले बसकेक त्यो हांवें बरोवन काडल्यात.

आजून मेरेन कविता येतना उतरां खातीर हांव आडखळूंक ना. उतर सुचना म्हणून अडूंक ना. फकत 'उमळ जाली दिगंते, उजवाड आयलो रुजवणा' ह्या कडव्यान सुरू जावपी कवितेच्या वेळार मात, पांच कडवीं आयल्या उप्रांत निमाणें कडवें म्हाका

कशेंच सुचना जालें. त्या वेळार हांव कामाक मुरगांवां वतालों. काम करतासतना कामाचेर, खाणाजेवणाचेर, आनी परतो पणजे घरा येतना किद्‌याचेरच चित्त लागनाशिल्लें. दीसभर कविताच मनांत घोळटाली. ह्या मजगतीं केन्ना तरी म्हजो पांय फातरापोंदा कड्डल्लो जावंक जाय. बद्द सात दिसांनी बसिंतल्यान पणजे देंवतासतना अकस्मात म्हाका कवितेचें निमाणें कडवें आयलें. घरा येवन तें हांवें बरोवन काडलें. तें बरोवन काडल्या उप्रांत मात, पांय दुखता म्हणपाची म्हाका जाण जाली, त्या पैलीं न्हय. सृजनाची तांक ही अशी आसता. निर्मणेच्या वेळार हांव भोंवतणचो संवसार विसरतां. समाधी लागिल्लेवरी म्हजी अवस्ता जाता. कविता बरोवन जाल्या उप्रांत पासून, कितलो तरी वेळ ते ध्यानस्थ अवस्थेंतूच हांव उरतां.

पणजी-गोंय | पांडुरंग भांगी

वळेरी

१. उमाशेची काळखी ९
२. ही वाटय केन्ना केन्नाय १०
३. व्हाळ रगताचे व्हांवले ११
४. भुंयेच्या गर्भांतलो ज्वालामुखी १२
५. काळोख हार जावन १३
६. दोन कविता १४
७. अपेसाचेर अपेस १५
८. कितल्यो राती आयल्यो अशो १६
९. आंगार घेतले कितले घाय ... १७
१०. मन चित्रंगिची वाल १८
११. वतां हळदिचीं १९
१२. तुज्या सुकुमार दोळ्यांत २०
१३. वाखराचे धारेर २१
१४. पावलांय आज अशीं २२
१५. अशांत जाल्या वाट २३
१६. गांव सोडून वचूं नाका २४
१७. शहर वाडत वता २५
१८. हुपिल्ल्यो लक्षिमण रेशा २७
१९. दोन कविता २८
२०. सवणीं पाखांत २९
२१. उतरां येतात रुजून ३०
२२. पावलांय जोगलावतात ३१
२३. जायांच्यो फुल्ल्यो राती ३२
२४. ब्रह्मांडाचो भोगी ३३
२५. तांडव ३४
२६. दोन कविता ३५
२७. म्हाणात्रा ३६
२८. झाड ३७
२९. चक्र ३८
३०. दोन काणयो ३९
३१. रात ४०
३२. माती ४१
३३. किद्या खातीर हो जन्म ? ... ४२
३४. प्राक्तनाचे वाटेन भोंवतना ४४
३५. पिकिल्ल्या खिणार ४५
३६. वाट ४६
३७. चांफेल्ली सांज ४७
३८. रातय आज अशी ४८
३९. आघातार आघात सोंसतकीर . ४९
४०. धांपेल्या उजवाडात ५०
४१. लख्ख उजवाडलें ५१
४२. जन्म आनी मरण ५२
४३. राती ५३
४४. साळकां ५४
४५. भगव्यो वाती ५५
४६. खांबसुत्र्यांच्यो बावल्यो ५६
४७. जिणेच्या मोडणार ५७
४८. सकाळ ५८
४९. अखेरचें पेणें ५९

उमाशेची काळखी

अनवळखी जिणे वाटेर
हांवंय एक अनवळखी
उक्ते दोळ्यां दिवे तरी
उमाशेची काळखी!

ही वाटय केन्ना केन्नाय

ही वाटय केन्ना केन्नाय
सोर्पाची फोडा
दोळ्यांतल्या बावल्यांक
तेजाबाची कळा

ही वाटय केन्ना केन्नाय
रेवाड्यांची घुंवाळी
चत्रायेची धंग तरी
चिनारेची अंधारी

शाश्वताचे भेटेक हाडूं
खंयचे अमृताचे कळे?
भोगितच जियेतां
मर्णाचे सुवाळे!

व्हाळ रगताचे व्हांवले

व्हाळ रगताचे व्हांवले
तणा उदेलीं पातीं
वातडेल्ल्या काळजांनी
पैस धुकल्लीं नातीं

घाय काळजाचेर घाल्ले
कशे मोन्यांनींच सोंसूं ?
बुडटा ओसाडींत तारूं
कसो देगेरच रावूं ?

भुंयेच्या गर्भांतलो ज्वालामुखी

भुंयेच्या गर्भांतलो ज्वालामुखी
भितल्ले भितर जाल्लो घुस्मटमार
अगड घळिंतले
सोंपून सोंपनाशिल्ले वळवळे
घडये फांतोड्ड फुटचीच ना
अशी अथांग रात
मदींच किंवाटून
शिरा शिरांनी उसळलेल्यो ओसाडी
जंयचे थंयच जिरैल्यो
दोळ्यांनी विजेच्यो झडी.

पावस बडवल्लेवरी आवाज
वागोळ्यांनीं पांखां फडफडायल्लेवरी
भूत कशी रात
अशा वेळारय
काळजांतल्यान वाटो फुटत आसतात
वाटांक आतां अंत ना
सोंसणिकायेक मीत ना!

काळोख हार जावन

काळोख हार जावन
विळखे घाली घालीत
सगळ्यांक गिळीत चल्ला.
उजवाडाक
घायांचीं भगां पडल्यांत
किवणांतले किडे
भयाच्या वागऱ्यांतच
आप आपल्या स्वार्थाच्या घोंटेरांत
गूल्ल आसात
वाऱ्यांत अगेलाची वीज आसा
ताकाय सर्वनाशाचो किटकिटो आयला!

प्रेशित आतां यंवपाचे नात
तांचे मार्गच बंद जाल्यात
देवळांतले देव
पाशाणांतच धुस्पल्यात.
आज कोणाक
कोणाचेंच पडूंक ना
किडयांचीय जीण आतां
किडयांच्या हातांत उरूंक ना!

दोन कविता

१.

काळोख
काळखांतच मेळटा उबारी
काळखांतच आसता फुलत
फुला फुलाची कळी.

२.

दीस फाड्याचे
निरोप घेवपाचे
किद्याक हिशोब जोडि-मोडिचो ?
घडये एकच धाकें
जायन धनी अलक्षाचो.

अपेसांचेर अपेस

अपेसांचेर अपेस
हीच
तुज्या संचिताची जोड
आनी दुशणाचेर दुशण
होच
तुज्या प्राक्तनाचो भोग.

तळमळ्यांक आतां पारावार ना
सोंसणिकायेच्या सिद्धिपेलो हो आकांत
कर मर्णाचीच आराधना
ते पैलीं,
तुजीय जीण जांवदी
जिणेक एक प्रार्थना!

कितल्यो राती आयल्यो अशो

कितल्यो राती आयल्यो अशो। म्हाका हुमटावन उडोवन गेल्यो।
कितल्यो राती आयल्यो अशो। दाग दाग दिवन गेल्यो।
आधाराक हात तुजो। हातांत केन्नाच मेळलो ना
लक्तुबायेन तुवें म्हाका। केन्नाच समजून घेतलो ना।
खंत ना गो ताजी आतां। दीस अशेच उडून गेले।
कल्लोळांचीं ल्हारां जालीं। अमृताचे कळे ॥

आंगार घेतले कितले घाय

आंगार घेतले कितले घाय
तांचे जाले चांदन्या कळे;
चंदन जाल्ल्या देहाक आतां
फुटले मायेचे उमाळे.

वीज फुटून पेटलो प्राण
दोळे जाले जोगी
चिरंतना वाटेर आतां
अखंड लागल्यो जोती!

मन चित्रंगिची वाल

मन चित्रंगिची वाल, तिका
सप्न सारंगिचो बेल
मन सासणाचो सासणाचो
कृष्ण कालियाचो खेळ!

वतां हळदिचीं

वतां हळदिचीं हळदिचीं
भुंये होंकलेचो चुडो
नितळ निळ्या मळबाचो
रंगून रंगता विडो!

WORLD KONKANI CENTRE
विश्व कोंकणी केंद्र

तुज्या सुकुमार दोळ्यांत

तुज्या सुकुमार दोळ्यांत
चांदनें चंवरलेलेंच आसतालें
आनी तुज्या आंकवार ओंठांचेर
धतरिचेंच गीत खेळटालें.

म्हज्या उचंबळ पावलांचेर तेन्ना
धांवून येतालीं कितलीं –
सवण्यांचीं सपन-गर्भेस्त ल्हारां
काळजांत गोठेल्लींच आशिल्लीं
वावटळेचीं मोडां.

अशे आशाढून आयल्यात आतां दोळे
वीज केन्ना फुटून उसळत म्हणपाचें कळना
तुजे म्हजे बेंगेक आतां
मळबय पावना!

वाखराचे धारेर

वाखराचे धारेर
मोडाचीं ल्हारां झेलीत
मोन्यांनींच बसुंया
मोनेळीन उलोवया.

पावलांय आज अशीं

पावलांय आज अशीं
चक्रांचो फेरो
शिंवरेलें चांदनें जालां
मोगऱ्यांचो हांसो!

अशांत जाल्या वाट

अशांत जाल्या वाट
अशांत अशांतिचो साद
अशांत हावेसांचे कळे
अशांत दोळ्यांचे पारवे
अशांत रगृतांतलो जोगी;
मळबाचेर झोंपे घेता
देहाचीच कोंबेल्ली माती!

गांव सोडून वचूं नाका

गांव सोडून वचूं नाका
वता थंय हो गांव
तुजे फाटल्यान येतलो
खंयींय गेल्यार
भूंय तीच आसता
मळब तेंच उरता.

वतलो जाल्यार
हे भुंयेची धूळ
मस्तकाक लाय
घडये तुका कोणय हांसुंये
हांसता ताका हांसुंदी
ताका सांग:
हेच भुंयेचो धग
म्हज्याय प्राणांत आसा
हेच भुंयेचो ताल
म्हज्याय पावलांर खेळटा
हेच भुंयेचो उमाळो
म्हज्याय काळजांत उसळटा.

हे एकटुके वाटेर
घडये फातर
फुलां जावन
तुजे खातीर सडो घालुये
भर दनपारच्या कडावेलें वत
चांदन्याची चंवरी जावन
तुका वारो घालुंये
गांव सोडून वचूं नाका.

शहर वाडत वता

काळोख देंवत आसा, तशे
दिवे लखलखून पेट्टात
लोक इल्लो इल्लो
भितोंडेक येत आसा
यंत्रांच्या तालाचेर राती,
तांचे खातीर तूं
आतां आल्लय गा.

काळोख रंगार येता, तशी
रात वाडत वता
खंयीं तरी फुलिल्ल्या
सांतोणाच्या उग्र वासांत
रातिकय उन्माद चड्टा;
एक कवी मात
शहराच्यो व्यथा जागैत
कळवळून तळमळटा
नक्षत्रांच्या अर्थहीन उजवाडांत
आपल्या सपनांचो
एक एक जुंवो
बुडिल्लो पळेता.

शहर वाडटा
तितलें अनवळखी
जायत जायत
मनिसपण विसरता.

....

शारा, त्या कविच्यो व्यथा
आनी तळमळे
तुजे खातिरच आसात.
त्यो व्यथा समजून घे
ल्हान भुरग्याक
खांदार घाल्लेवरी
ताका खांदार घाल
ताका फाटीर थापटीत
आल्लय गा
ताज्या सप्नांतय
तो तुज्योच व्यथा जागैता
त्या व्यथांच्या आनी
तळमळ्यांच्या उज्यांतल्यान
घडये उजवाड फांकून गावये
उणें जाल्लें मनिसपण
रुखावरी फुलून फळुंये ?

हुपिल्ल्यो लक्षिमण रेशा

हुपिल्ल्यो लक्षिमण रेशा
जाल्ली वाताहात, तरी
वांट्याक आयिल्लीं कितलिंशींच सुखां
पिसावन खुबळलेलो वारो
फुलचे पैलींच खुडिल्ले
मोनेच कळे
मार्गी मार्गार शेंडिल्ले
वताचे कुडके
जमनीर माड्डून चिड्डल्लीं फुलां
रगृतान शिंपिल्ल्या कुणग्यांनी मात
मातून आयल्यांत भांगराचीं कणसां!

शांत तटस्थ उबे
पान पान गळिल्ले रूख
तांकांय फुटून येतली
लुसलुशीत आंकुरी
बियांकय फुटून येतले कोंब
मिर्गाचे धारेर
रानांत बांसरेचे सूर
जिवस वारो
चंद्राचो शेंपो फुलैत
नाचत आसा पुनवेचो म्होर

काळजांत कोगूळ
घालीत आसा
सादाचेर साद
माये-मोगा कळवळ्यान
लामणदिव्यांत जळटा वात!

दोन कविता

१.

आशाढाचें गीत गायत
एक वड विस्तारता;
म्हज्या शिरंत्रांतल्यान पावस,
दडका दडकांनी बडवता!

२.

काजुले झिगझिगतात
भुरगेपणांतल्यो यादी
दडकांतल्यान हार्शेतात!

सवर्णी पांखांत...

सवर्णीं पांखांत
मळब घेवन उडटात
ल्हारा ल्हारांतले हावेस
दोळ्या दोळ्यांनीं उसळटात !

उतरां येतात रुजून

उतरां येतात रुजून
तरशिल्ले मातयेंतल्यान
रगूताच्या थेंब्यांतल्यान

उतरां जातात ज्वालागृही
सर्वभक्षी
विद्रोही

उतरां आसतात म्हौंवीं
अमृताचे थेंबे
आमोरेच्या वेळावेले
मोगरेचे कळे!

पावलांय जोगलावतात...

पावलांय जोगलावतात, तेन्ना
फुलांय हुंकारून ओंकारतात!

जायांच्यो फुल्ल्यो राती

जायांच्यो फुल्ल्यो राती
जायांच्यो राती
मांडार आयल्यात देव खेळूंक
नक्षत्रांच्यो जोती

देव लागले खेळूंक
आनी मळब लागलें हालूं
किरंगळीर ब्रह्म म्हज्या
ब्रह्मच लागलें धोलूं

ब्रह्म अशें धोलतां धोलतां
पेटले कितले सूर्या
उजवाडाचे हुंवांर जाले
दोळ्यांतले दर्या!

ब्रह्मांडाचो भोगी

चांदनें अशें फुलार, दर्याकय भार
देगेर आतां आयलां फुटूंक चंद्राचें ल्हार
तटास जाल्यात रूख, तटास जाल्यात सांवळ्यो
तटास जाला वारो, तटास जाल्यात दिखो
तटास जाल्यात चुडी आनी तटास तांच्यो जोती
मोनेळिचे वाटेर हांव ब्रह्मांडाचो भोगी!

तांडव

सरत्या वैशाखांतले
मध्यान रातीर
शंकराचीं तांबडींगूंज फुलां
म्हज्या दोळ्यांत
उज्याचीं ल्हारां जाल्यांत
मनांत आदिम काळाचे धोल
थांबनासतना वाजत आसात
आदिपुरुशाचो नाच खेळपाक
पांय सामके फुलून आयल्यात.

धोलांक कैफ चडला
नाचाक येदो भार
केंस नक्षत्रांक आपटतात
हात दिको आंवुळटात
सगळें ब्रह्मांडच डळमळटा
पांय आतां पांय उरूंक नात
ते पेटिल्ल्यो चुडी जाल्यात
बोटा बोटांतल्यान विजेच्यो झडी
झडूंक लागल्यात
ब्रह्मांडाचीं ब्रह्मांडां हुपूंक
आत्म्याक मूक्त जावपाचे
वेध लागल्यात
सुर्या सुर्यांत तो एकरुपावतलो
आनी सासणाचे न्हिदे उप्रांतय
म्हजो प्राण
नवे जागृतायेंत जागो जातलो!

दोन कविता

१.

दवाचो थेंबो
सुर्याक वेंगेंत घेवन लिकलिकता
एक खीण
खिणभर गोठेता
निराकाराक आंवडेता.

२.

तळ्याच्या शिरशिऱ्यार
चंद्रय शिरशिरून शिरशिरता
आनी रातय चंद्राक
आपले चोंचींत घेवन फांतेता.

म्हायात्रा

म्हासमुद्रांतल्यान
म्हायात्रेचे
भोंवडेक वतनां
वाटेरच मरण आयल्यार
म्हाका दर्यांत उडयात.
ल्हारां खंयचेय तरी तडीक
म्हाका लायतलीं
नुस्त्यान आनी गिधांनीं
मांस खावन उडैलेउप्रांत
सांगाड्यांतल्यान
उजवाडाचो कोंब कसो
एक सपूनांचो रूख
खांदये खांदयेन विस्तारतलो;
तो फुलून आनी फळून येतकीर
ताज्या घमघमान
आठय दिकांतलीं सवणीं
थंय धांवून येतलीं;
फळांतलें अमृत चोखतना
सप्नांचीं गितां
तांच्या ओंठांर फुलतलीं
अज्ञाताच्या सोदाक
तांचीं पांखां उडत रावतलीं...

झाड

झाडाचे देगेर
शिळाय मोनेव्हून सांजेतनां
झाडाचे रक्तसावळेंत
जोगलावल्लीं कुपां
सवण्यांचीं भिरीं जावन घोंटुरतात.

ह्या खिणार
घोंटेरांत न्हिदिल्ल्या सवण्यांक
झाड,
आपल्या पानांनी
आल्लय गायता
अक्खी रात
जागिल्लें झाड
फांत्या पारार
सवण्यांवरीच किळबिळटा
आनी
उजवाडाक अर्गीं दितना
पानांचीं पांखां जावन
उडटना
झाडच
ओंकार जावन फांकारता
चराचराक प्राण दीत
घुंघुरून घुंघुरता!

चक्र

तूं मिर्गाची धार जाल्यार
हांव अगेलाचो नाच आसां
तूं शांतिचें गीत जाल्यार
हांव बंडाचो उलो आसां
तूं न्हंयेंची भरती जाल्यार
हांव दर्याचें खरयें आसां
तूं जिवस भूंय जाल्यार
हांव तिख्याचें जगल आसां
तूं फांतोड्डेचें नक्षत्र जाल्यार
हांव दनपारचो सूर्य आसां
तूं सारंगिचे सूर जाल्यार
हांव अगेलाचो नाच आसां.

दोन कणयो

१.

मळब नक्षत्रांनी पर्जळटा
चांद्नें चांदन्यांत पर्मळटा.

२.

जिणेची यात्रा सोंपता
तेन्नाच
मर्णाचो उजवाड फांकता.

विश्व कोंकणी पुस्तकालय

रात

रात रानांत कारंजावरी उसळटा
दोळ्यांत एक पैसुलें नक्षत्र आंकुरता.

माती

'माती मातयेंतल्यान साकारतना, मातयेचें हड्डें फुलून येता.'
हड्डें फुलून प्राणाचो हुंकार मातून येता, तेन्नाच ही माती
संवसाराक पोसणी अन्नपूर्णा जाता.
केन्ना हिमवताची धूव उमा पार्वतिच्या रुपान तिका आमी भजतांत.
केन्ना अदितिच्या रुपान, केन्ना पृथ्विच्या रुपान, केन्ना रेणुकेच्या रुपान,
केन्ना कुंकुणांबेच्या रुपान, केन्ना सांतेरिच्या रुपान तिका आमी होरायतांत.

ही माती केन्ना संव्हार करपी चंडी जाता.
केन्ना रगताचो घोंट घेवपी काली जाता.
जिणेचो आंग अखंड व्हांवपाखातीर ही शांतिरुपी दुर्गेच्या रुपान
आमची राखणायत देवता जाता.

आज ना जाल्यार फाल्यां, हो देह थकून,
हे मातयेंचेंच कुशींत सासणाचोच मुंगरतलो.
ह्या भस्मिभूत जाल्ल्या कुडिच्या गोबराक,
ही माती आल्लय गायतली.
तुज्यांत भरसल्लो आनी तुजेंच रूप घेतिल्लो कुडिचो
हो चिमटिभर गोबोर, जेन्ना उजवाडाचे कण वेंचूंक लागतलो,
तेन्ना आमचीं शेतां-भाटां लसलसून फळादिक जावपाखातीर,
हे कल्याणी, ह्या गोबराक साऱ्याचें बळगें दी.

किद्याखातीर हो जन्म ?

किद्याखातीर हो जन्म ?
जाप मेळना.
किद्याखातीर हो संवसार करप ?
फाल्यांचें मडें कशें आज जियेत
आप-आपलेपरी नवे जीव जन्माक घालीत
शाश्वताचो सोंस धरप ?

किद्याचोच ठाव मेळना
आज व्यथा
सुवयो कशो
रोंबत रावल्यात.

जीण पारजताच्या फुलावरी जालिना
ओंवळांचोय वास तिका आयलोना
रातराणयेचो पर्मळ
जायांचो आनी हात्याचो घमघम
तिका सुटलोना
सपूनांची केल्ली जोगोवणी
हुंवारून आयिल्ल्या व्हाळाच्या झोतांत
जंयचे थंयच वर्जळून गेली
तरी वाट विसरून
केन्नाय अकस्मात आयिल्लें किरांचें भिरें
कास्ट जायत आयिल्ल्या झाडाक हालैता

सपूनांच्या चांदन्यांत
पान पान चिप्प भिजैत
नवी आंकरी फोडून वता.

हे कुडिचीं पानां
तेन्ना आनंदान
वाऱ्या वांगडा उचंबळून
नाचूंक लागतात
भर्तेच्या ल्हारांवरी रगतय
भितल्ले भितर उसळटा
हांव हांव उरना
भल्लेल्या संवसारांत
एकटुकोच जियेल्लो हो जुंवो
धर्तरेच्या तालाचेर नाचूंक लागता
नक्षत्रांच्यो चुडी पेटैत
तो दिखो विसगता
सोंशिल्ल्या मोडांचे कल्लोळ फांकैत
दोळेच, मळबाची निळाय
व्यापून वतात
फाल्यांची फांतोडड फुलोवपाक
धारेचेर
ते आपलो खेळ मांडीत
खेळत रावतात.

प्राक्तनाचे वाटेन भोंवतना

प्राक्तनाचो सोद घेत भोंवतना
वारोय एकाद्रेवेळा भालो कसो तोपता
झाडां-पेडांक झडपून
आपलो खेळ खेळटना
म्हज्या संचिताच्या पोशांत
चार पारजताचीं फुलां तो उडैता
अस्तमतेची साय मांडिल्ल्या दोळ्यांत
सकाळ झिळमिळून झिळमिळटा!

पिकिल्ल्या खिणार

अस्तमानाच्या
एका पिकिल्ल्या खिणार
आबोल्यांचे वाटेन गेल्लो हो प्राण
आतां चांफेवन येता
खिणा मजगतीं सर्णार चडिल्लो देह
भस्मिभूत जावन पर्मळटा!

वाट

ही वाट
जायेची कळी
शतजन्मां पुण्यायेची
प्रसादाची कळी!

चांफेल्ली सांज

उतरांच्या मळबांतल्यान
नक्षत्रां पिकून झडटना
सांजय चांफेवन पर्मळटा
पावलांचेर दाटिल्लो धूल्ल
कस्तुरी जावन घमघमता!

रातय आज अशी

रातय आज अशी
अंतरांतली भोंवडी
तटास जाले दोळे
तटास पेटिल्ल्यो वाती

तटास ओसाडिचीं ल्हारां
तटास नक्षत्रांचीं औरां
अंतरांतली भोंवडी आतां
निःशब्दाचीं चंवरां!

आघातार आघात सोंसतकीर

आघातार आघात सोंसतकीर
काळीज रक्तबंबाळ जाता
रगताच्या थेंब्या थेंब्यांतल्यान
वाटेक वाट फुट्टा
वाटच सूर्य जावन वता!

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
विश्व कोंकणी ग्रंथालय

धारेपेल्या उजवाडांत...

ऋतुंचे कितले तरी सुवाळे तुवें भोगल्यात
वावटळिचीं कितलीं तरी मोडां तुवें झेल्ल्यांत
तुज्या काळजांतल्यान
आतां उदकाचे झरे फुट्टात
नक्षत्रांच्या उजवाडांत, फुलां
दवाचीं सपूनां पळेतात
जिणय जोगूल जावन जोगलावता
आतां अखेरची भैरवी गायत राव
धारेपेल्या उजवाडांत जळत राव.

लखख उजवाडलें

मळब आपले
मोनेळीन उलैतना
वाऱ्यान
कळये कळयेक जागैली
एक सवणें
भोंवाडो काडून
दिगंतराक उडलें

लख्ख उजवाडलें!

जन्म आनी मरण

जन्म आनी मरण
हांचे मदीं
उजवाडाचो
एकच धागो आसा
हो पिंपळय
वाऱ्यान सळसळटा
हो वडय
वंशाच्या दिव्यांखातीर
आपल्याक
पाळां फोड्टा
जन्म धरून
मर मेरेन
दर एकलो
आपली अदृस्टवाट
सोदीत भोंवता
आनी आतां –
पिंपळय
वता सावळेची
नक्षी विणीत
कोणा भाग्यवंताची
शेणिल्ली वाट रेखता.

राती

राती
तुज्या पांचव्याचार
पावसांत न्हाणैत
म्हाका वेंगेंत घे
म्हजें उतर
जगल, अणुची गर्भकणी
ताका प्रेशितांचे वाणयेची
धार दी,
म्हजें जोगुल-मरण जियेवपाक
म्हाका खुर्सार मार
आनी राती
तूंय जा
तरसादिचे धारेची
ज्वालामुखिच्या लाव्हांची.

साळकां

१.

ल्हारां उसळटात
काय पारवे उड्टात?
तांच्या पांखां पांखांतल्यान
जोगलां जोगलावतात.

२.

तळ्याच्या उदकांतल्यान
सुर्या किर्णां फांकतात
नुस्त्याच्या दोळ्यांत
साळकां उदेतात.

३.

रातय आज निळी
आनी वाटय अशी पाचवी
पानां पानांचेर रानांत
चंद्राची नक्षी.

भगव्यो वाती

स्वासा उस्वासांची झाडी
मळबार सवण्यांची नक्षी
पांखां पांखांत तांच्या
ज्वालांच्यो भगव्यो वाती!

खांबसुत्र्यांच्यो बावल्यो

खांबसुत्र्यांच्यो बावल्यो आमी
खांबसुत्र्यांच्यो बावल्यो
अवकाशांत हुमकळलेल्यो
भुमितिच्यो आकृतायो !

जिणेच्या मोडणार

जिणेच्या मोडणार आज, मरणय
घागऱ्यो वाजैत साद घालता
उजवाडाक आशेल्ली जीण
मर्णांतय स्वप्नेत जियेता!

सकाळ

सांजेवरीच
सकाळचोय
एकच रंग आसता;
मरणय
सप्नांच्या देशांत
उदेल्ली
एक सकाळच आसता.

अखेरचें पेणों

मोगरेच्या कळ्यांवेलें चांदनें
तशें जांवचें
म्हजें अखेरचें पेणों!

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY

पांडुरंग भांगी हांची बरपावळ

कविता

दिस्टावो

अदृस्टाचे कळे

भाशांतर (नाटकां)

सालोमे [मूळ लेखक : ऑस्कर वायल्ड]

यदीप राजा [मूळ लेखक : सॉफॉक्लिश]

चित्रांगदा [मूळ लेखक : रविंद्रनाथ टागोर]

संपादन

कोंकणी शब्दसागर

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
विश्व कोंकणी पुस्तकालय

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
विश्व कोंकणी पुस्तकालय

सातय आज अर्ती
अंतरांतली ओंवळी
तटास जाके दोळे
तटास पेटिल्ल्यो वाती

तटास ओसाडिचीं व्हारां
तटासनक्षत्रांचीं ओरां
अंतरांतली ओंवळी आतां
निःशब्दाचीं चंवरां !

पांडुरंग भांगी

ॐ श्री दत्त पद्मजा प्रकाशन
श्रीस्थळ, काणकोण – गोंय ४०३ ७०२

ISBN 81-900808-7-3